# <u>अहमदाबाद आनी ब्रम्हावरच्या बिशपांनी राज्यपालांची भेट घेतली</u>

ता. 24 सप्टेंबर 2021

अहमदाबाद शाराचे बिशप डॉ. गिवर्गिस युलिओस आनी ब्रम्हावर शाराचे बिशप याकुब इलियास हांणी आयज राजभवनार गोंयचें राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांची भेट घेतली. ते आल्वारिस ज्युलियोस म्हळ्यार वेर्णाचे फा. आंतोनियो फ्रान्सिस्को झेवियर आल्वारिस हांच्या फेस्तानिमतान गोंयांत आयिल्ले आसात.

राज्यपालान तांचो ऑर्थोडॉक्स चर्चीकडेन आशिल्ल्या संयोगाचो उगडास करून गोंयकार धर्मगुरू मलांकारा ऑर्थोडॉक्स चर्चीचो भाग तशेंच गोंय आनी केरळामदी शंभर वर्सा परस चड वर्सां सावन धर्मिक भावनेचे नाते आशिल्लेखातीर समाधान उक्तायले आनी राज्यपालान बिशपांक फेस्ताची परबीं दिली. गोंयच्या राजभवनावतीन हालीच जाहिर केल्ल्या परोपकारी कार्याखातीर बिशपांनी मानादीक राज्यपालांची तोखणाय करून आशिर्वाद दिलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/788

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji